# मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं ज्ञान सेतू - ह्या रुआ द ओरे खाडीचेर उभारिल्ल्या पादचारी पूलाचे उक्तावण

ता. 1 ऑक्टोबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल पणजी शारातल्या रुआ द ओरे खाडीचेर उभारिल्ल्या "ज्ञान सेतू" ह्या पादचारी पुलाचे महसूल मंत्री श्री आतानासिओ मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

गोंय राज्य साधनसुविधा उदरगत म्हमंडळान रुआ द ओरे ते सेंट्रल लायब्ररी मेरेन खाडीचेर उभारिल्ल्या ह्या पादचारी पूलाच्या बांदकामाखातीर सुमार रु. 7. 64 कोटी खर्च केल्यात.

ह्या वेळार आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें की, पयली पाटो परिसराक आर्थिक केंद्र म्हूण वळखताले, पुण ह्या फुडें ह्या परिसराक शिक्षणीक हब म्हणूनय वळखले वतले. ह्या वाठारातली जैवविविधता सांबाळून दवरपाखातीर आवश्यक आशिल्ली सगळीं काळजी घेवन फकत पायाभूत सुविधांचो विकास करपात येतलो, अशें तांणी सांगलें.

पणजी शाराची सोबीतकाय वाडोवपी ह्या प्रकल्पाच्या सरभोवतणी नितळसाण राखपाचे आवाहनय तांणी केले. पणजी शाराचो स्मार्ट सिटी म्हूण विकास करपाच्या कामात आता ह्या प्रकल्पाची भर पडल्या, अशेंय तांणी म्हणलें.

कळंगुटचे आमदार श्री मायकल लोबो, पणजीचे महापौर श्री रोहित मोन्सेरात उपमहापौर श्री संजीव नाईक, नगरसेवक श्री शुभम चोडणकर, श्रीमती आदिती चोपडेकर, श्रीमती मनीषा मणेरीकर, जिल्हाधिकारी श्रीमती मामू हागे कला आनी संस्कृती संचालक श्री सगुण वेळीप आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

इमॅजिन स्मार्ट सिटी मिशनचे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री रवी धवन हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. कु.आदिका फळदेसाय हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. जीएसआयडीसी चे एमडी श्री हरीश अडकोणकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/604

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji